# कारीगर मेळावो शुक्रार 17 जुलय मेरेन उकतो

ता. 16 जुलय 2026

संवसारीक युवा कुशळटाय दिसानिमतान कला अकादमी, कांपाल पणजी हांगा आयोजीत केल्लो कारीगर मेळावो तथा प्रदर्शन शुक्रार 17 जुलय दिसा सांजेच्या 5.00 वरा मेरेन उकते आसतले. स्वयंपुर्ण गोंय कार्यक्रमा खाला आयोजीत केल्ल्या कारीगर मेळावो तथा प्रदर्शनाचे उक्तावण काल मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं जाले.

ह्या मेळाव्यात युवक, आयटीआय प्रशिक्षणार्थी, महिला आनी कारीगरां सयत 400 परस चड कुशळ वेवसायिकांनी वाटो घेवन आपल्या हस्तकला आनी कारीगर वस्तुंचे प्रदर्शन मांडला. तशेंच कारीगरांकडल्यान विद्यार्थी आनी हेर वेवसायिकांक यंत्रां आनी हेर वस्तुंची प्रात्यक्षिकां दाखोवपात येता.

राज्य पांवड्या वयल्या संवसारीक युवा कुशळटाय दीस कार्यक्रमात कुशळटाय प्रशिक्षणा खातीर संस्थांवागडा समजीकाय कबलातीचेर सय जाली.

ह्या कार्यक्रमात मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं राष्ट्रीय, विभागीय आनी राज्य पांवड्या वयल्या कुशळटाय सर्तींच्या जैतिवंतांक इनामां भेटयली. वेवसायिकांचो सत्कार जालो. तशेंच आयटीआय प्रशिक्षमार्थ्यांक प्रमाणपत्रां भेटयली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/466

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.